PANAJI NATIONAL 4.8.25 AT 6.30 PM

Rahul 110

२०२० त ची ना वांगडा जाल्या गलवान व्हॅली संघर्षाच्या संदर्भात भारतीय सैन्याबद्दल केल्या कथित अपमानास्पद टिप्पण्यांबद्दल सर्वोच्च न्यायालयान आज विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीचेर नाराजी व्यक्त केली. जरी अंतरिम थाकाय दिवक ना  तरी, सुनावणी वेळार, खंडपीठा गांधींच्या विधानांचेर नाराजी व्यक्त करताना ही तोंडी टिप्पणी केली. न्यायमूर्ती दीपंकर दत्ता आणि ए.जी. मसीह यांच्या खंडपीठान अशे निरीक्षण नोंद केले की, विरोधी पक्ष पुडारी आशिल्यान त्यांनी सोशल मीडियाचेर न्हय तर संसदेत अशो चिंता व्यक्त करच्यो. न्यायमूर्ती दत्ता यांनी  २००० चौरस किलोमीटर भारतीय भूभागार चीनान कब्जा केला ह्या गांधीच्या दाव्यार प्रश्नचिन्ह उपस्थित केले. आदल्या बीआरओ संचालकांनी दाखल केल्या फौजदारी मानहानीच्या खटल्याला स्थगिती दितना, न्यायालयान अलाहाबाद उच्च न्यायालयाची कार्यवाय रद्द करपाक नकार देण्याआड गांधींच्या याचिकेर नोटीस दिली.

Mandviya

केंद्रीय कामगार आणि रोजगार मंत्री मनसुख मांडविया हाणी सांगले की, फाटल्या १६ महिन्यांत रोजगार मेळाव्याअंतर्गत ११ लाखां परस चड इच्छुकांक

नोकरी मेळल्यात. लोकसभेत एका पुरवणी प्रश्नाक जाप दितना केंद्रीय मंत्र्यान म्हणले की, आरबीआयच्या अहवाला प्रमाण, फाटल्या दशकात १७ कोटींपरसअधिक तरणांट्यांक रोजगार मेळला. कृषी क्षेत्रात रोजगार निर्मिती १६ टक्क्यावेल्यान १९ टक्क्यांपर्यंत वाढली . बेरोजगारीचो दर ३.२ टक्क्यांपर्यंत घसरला , जो कितलेशाच विकसित देशांमदी दिसपी दरांपेक्षा लक्षणीयरीत्या कमी आसा, अशेय त्यांनी नमूद केले. BYTE SERVICE SECTOR

Jarkhand 130

झारखंडाचे आदले मुख्यमंत्री,शिबू सोरेन हांका आज सकाळी गंगाराम हॉस्पीटल नवी दिल्लीत मरण आयले.तांच्या सन्मानार्थ राज्य सरकारान तीन दिसांचो राजकीय शोक जाहीर केला. तांच्या मरणाबद्दल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि हेर मानेस्तांनी शोक व्यक्त केला . सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हण ला की, सोरेन यांचे मरण हे सामाजिक न्यायाच्या क्षेत्रात व्हड नुकसान आसा. त्यांनी आदिवासी वळख आणि झारखंड राज्याच्या निर्मिती खातीर फुढाकार घेतिल्लो. लोकांच्या, खासा आदिवासी समुदायांच्या कल्याणाचेर त्यांनी दिल्लो भर सदाच लक्षात उर तलो असे राष्ट्रपतींनी म्हळा. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी झारखंडचे आपले मुख्यमंत्री हे तळागाळातले फुडारी म्हण वळखताले ते भौशिक जीणेत जनतेप्रती अढळ समर्पणान मुखार आयले. सोरेन आदिवासी समुदाय, गरीब आणि दलितांक सक्षम करपाक वावुरताले संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणीय श्रद्धांजली ओपताना तांका सगळयात ज्येष्ठ पुडाऱ्यापैकी एक अशे व्हळे आणि सोरेन सदाच धरतरेकडे आणि लोकांकडे जोडलेले उरतले अशे म्हळे Byte

Joshi 55

बिहारातल्या विशेष सघन सुधारणा (एसआयआर) प्रक्रियेर चिंता व्यक्त करपी विरोधकांचेर केंद्रीय ग्राहक व्यवहार, अन्न आणि भौशिक वितरण मंत्री प्रल्हाद जोशी यांनी आज टीका केली. संसदे भायर पत्रकारांकडे उलयताना  जोशी हाणी म्हणले, की एसआयआर देशात पयले च फावट जायना, तर अशे कितले वेळा घडला. विरोधी पक्षाच्या फुडाऱ्यांचो वेचणूक आयोग, सर्वोच्च न्यायालय आणि कॅगार विश्वास ना असो .आरोप  जोशी यांनी के लो.

WEATHER  50

उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, केरळ माहे, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात काय सुवातींनी  पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला . आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण कर्नाटक, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, लक्षद्वीप, मध्य प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी दक्षिण अंतर्गत कर्नाटकांतय आयज घोग्यांनी  पावस पडूं येता.

Golf 30

पाइनहर्स्ट व्हिलेज हांगा जाल्या यूएस किड्स वर्ल्ड चॅम्पियनशिप गोल्फ स्पर्धेत भारताची वेदिका भन्साळी विजेती थारली. चलयांच्या ९ वर्स गटात खेळताना, वेदिकान  जपानच्या एमी मिनामीक एका शॉटान आणि अमेरिकेच्या ऑड्रे झांग हाका दोन शॉटान' हारायले

आणि ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.